Panaji regional news

06 sept 2025,,7.20pm

एका दीसाचे अधिवेशन

53

गोंय विधिनसभेच्या नव्या सभापतीची निवड करपा खातीर गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु हांणी 25 सप्टेंबर गोंय विधिनसभेचे अधिवेशन आपयला.सभापती रमेश तवडकार हांणी सभापती पदाचो राजीनामो दील्या उपरांत हे पद रीते आसा.हे फांटभुयेर नव्या सभापतीची नेमणुकेच्या नदरेतल्यान 25 सप्टेंबराक सकाळी11:30 वराचेर एका दीसाचे अधिवेशन गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु आपोवपाचो आदेश दीला.

Gst 95

सरकारान सुरू केल्यो वस्तू आणि सेवा कर सुधारणा २२ सप्टेंबर सावन गिरायकांच्या दिसपट्यां वापराच्या वेगवेगळ्या वस्तूं वेलो कर दर कमी करपाक सज्ज आसात. या सुधारणांचो थेट फायदो ८ कोटीं परस अधिक ग्रामीण शेतकरी कुटुंबांक जातलो खास करून ल्हान, सीमांत आणि भूमिहीन कामगारांक, जे त्यांच्या उपजीविकेखातीर दुधाळ जनावरा पाळतात आणि गिरायकांक व्हडा प्रमाणात आधार दितात. जीएसटी कौन्सिलान अ/प्रत्यक्ष कर प्रणाली ५ टक्के, १२ टक्के, १८ टक्के आणि अट्ठवीस टक्के अशा चार-स्तरीय रचनेतल्यान ५ टक्के आणि १८ टक्के अशा दोन-स्तरीय रचनेत सुलभ केल्या . सामान्य मनशाचेर लक्ष केंद्रित करून जीएसटी दरात कपात आणि तर्क/संगती/करण २२ सप्टेंबरसावन ग्राहक आणि व्यवसाय कर कसो भरतले हे परत एकदा थारतले

Vaishnav 80

माहिती आणि प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी म्हणले की, प्रधानमंत्रयानी फुडल्या पिळगी खातीरच्या जीएसटी सुधारणांसयत मध्यमवर्गीय कुटुंबांक महत्त्वपूर्ण थाकाय आणि मोलादीक भेट दिल्या. आज नवी दिल्लीत माध्यमांक माहिती दितना वैष्णव हांणी म्हणले की, जीएसटी सुधारणांक लागुन देशाच्या जीडीपीत सुमार २० लाख कोटी रुपया वाढपाची अपेक्षा आसा ज्याकालागुन देशाच्या अर्थव्यवस्थेक लक्षणीय/रीत्या चालना मेळटली. २०१४ वर्सा आदी सामान्य मनीस गुंतागुंतीच्या करांच्या जाळयात अडकल्लो जाका लागुन मध्यमवर्गीय कुटुंबांर वजें पडताले . त्यांनी सांगले की, जीएसटी सुधारणांवरवी ही व्यवस्था आता सोपी आणि स्थिर केल्या

220 जॅक सुखीजा

पणजीः ट्रॅव्हल अँड टुरिझम असोसिएशन ऑफ गोवा (टीटीएजी) हांणी हालींच जीएसटी सुदारणांक येवकार दिला आनी ह्या उपायांक लागून विमान कंपन्यांक आनी हॉटेलांक सुटका मेळटली, तेच बरोबर गिरायकांकय फायदो जातलो अशें सांगलां. जीएसटी दर उणो जाल्ल्यान चड खर्चाची शक्त प्रवाशांच्या हातांत येतली आनी पर्यटन क्षेत्राची स्पर्धात्मकताय वाडटली अशें टीटीएजीचे जॅक सुखीजा हांणी ह्या घडामोडींचेर उलयतना सांगलें.

तातूंतली एक मुखेल घोशणा म्हळयार अर्थीक दर्ज्याच्या विमान भाड्याचेर जीएसटी 5 टक्क्यांनी उणो करप, जाका लागून तिकेटांचे दर उणे जावपाची शक्यताय आसा आनी चड प्रवासाक प्रोत्साहन मेळपाची शक्यताय आसा. हाका लागून गिरायका खातीर बचत जातली आनी तांच्या हातांतलो खर्च वाडटलो अशें सुखीजा हांणी नदरेक हाडलें.

हॉस्पिटॅलिटी क्षेत्रा खातीर ₹7,500 सकयल आशिल्ल्या रूम दरांचेर जीएसटी दर 12% वयल्यान 5% मेरेन उणो केला. पूण हो उणो केल्लो दर इनपुट टॅक्स क्रेडीट (आयटीसी) दावो करपाचो फायदो नासतना येता. "हें उद्देगा खातीर एक मुखेल मदत आसली तांणी स्पश्ट केलें."पनीर, चीज, प्रक्रिया केल्लीं खाणां-जेवणाचीं वस्तू तशेंच वातानुकूलन आनी हॉटेलां आनी पर्यटन संचालकांनी वापरिल्ल्या वाहनां सारकिल्या भांडवल वस्तूंचेर जीएसटी दर

उणे जाल्ल्यान ह्या उद्देगाक आनीक एक उर्बा मेळळया. हाका लागून आमच्या कार्यावळींचो खर्च उणो जातलो आनी सेवा चड परवडटली अशें सुखीजा हांणी सांगलें.गोंयचे अर्थवेवस्थेचे म्हत्वाचे खांब आशिल्ले पर्यटन आनी आतिथ्य हांकां आदार दिवपाच्या सरकारा कडल्यान सकारात्मक हेतूचो संकेत ह्यो सुदारणा दाखयतात अशें टीटीएजीचें मत आसा. पूण अस्पश्टताय पयस करपा खातीर आनी सुगम अंमलबजावणी सुनिश्चीत करपा खातीर उद्देगीक भागधारक सविस्तर मार्गदर्शक तत्वांची वाट पळयता

110

इ-केव्हायसी शिबिरा

वेवहार खात्यान फोंडे आनी शिरोडा सार्वजनिक गणेश मंडळाचे माटवानी खाशेली इ-केव्हायसी शिबिरा घडोवन हाडली. सवाय आनी फुकट राशन हे लावार्थ्या मेरेन पावचे आनी ताचो दुरूपयोग जावचो न्हय हे खातीर केंद्र सरकारान राशन कार्डा खातीर इ-केव्हायसी सक्तिची केला. आतां मेरेन खात्यान अशी पांच खाशेली शिबिरां घडोवन हाडल्यात. ह्या शिबिरांत लावार्थ्यांचो व्हडा प्रमाणात प्रतिसाद मेळळो.नागरी पुरवण खातें आनी थळावे भौशीक गणेशोत्सव मंडळाच्या जोडपालवान परबेच्या वेळार पांच खाशेली इ-केव्हायसी शिबिरा घडोवन हाडल्यात. जे लोक देवाचे दर्शन घेवपाक येतात तेन्नाच तांच्या राशन कार्डाची इ-केव्हायसी अधिकारी करून घेतात.थारावीक मुजती भितर राशन कार्डाची इ-केव्हायसी करुंक ना जाल्यार राशनाचे लाव बंद करपाची शिटकावणी नागरी पुरवण खात्यान  दिल्या. हे फाटभूयेंर खात्यान इ-केव्हायसी करपाचे प्रक्रियेक नेट दिला.

विद्यार्थ्यांच्या मानसीक दुयेंस

मडगाव: दक्षिण गोंयांत शिकतल्या विद्यार्थ्यांमदी मानसिक ताणाची प्रकरणां दिसून आयल्यात. हाचेर उपाय काडपाखातीर दक्षिण गोंयच्यो जिल्हाधिकारी एग्ना क्लीटस हांचे अध्यक्षतेखाला काल जाल्ले जिल्लो निरिक्षण समितीचे बसकेंत शिक्षणीक संस्थां कडेन समन्वय करून विद्यार्थ्यांच्या मानसीक दुयेंसाचेर नियंत्रण दवरपा खातीर समिती नेमपाचो निर्णय घेतलो.

हे बसकेंत अतिरिक्त जिल्लोधिकारी रमेश गांवकार, उच्च शिक्षण संचालक भूषण सावयकार, तशेंच बायलां आनी बाल कल्याण खातें, भलायकी खातें, कायदा◌े खात्याचे सचीव, तंत्रीक शिक्षण, मुरगांवचे शिक्षण अधिकारी आनी हेर खात्यांचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

साकवाळ हांगाच्या एका नामनेच्या शिक्षण संस्थेत हालीच एका विद्यार्थ्यांक मरण आयिल्लें. ते फाटभुंयेचेर ही बसका आपयिल्ली. ही निरीक्षण समिती शाळा, म्हाविद्यालयां, विद्यापिठां आनी खाजगी प्रशिक्षण

केंद्रांकडेन समन्वय करतली. सगल्या शिक्षणीक आस्थापनांनी समान भलायकी धोरण आपणावप. सल्लागारांची नेमणूक करप, रॅगिंग आनी हेर प्रकाराचेर नियंत्रण हाडप, आत्महत्या आडावपाखातीर आदार यंत्रणा तयार करप तसेच शिक्षण संस्थेतले कर्मचारी आनी पालक हांचेमदीं विद्यार्थ्यांखातीर संवेदनशीलता तयार करपाखातीर धोरणा आपणावप.

शिक्षणीक आस्थापनांतल्या प्रगतीचो नियाळ घेवपा खातीर आनी थारायिल्ल्या वेळा भितर पयलो पालन अहवाल सादर करपा खातीर नेमान अंतराचेर बसका घेवपाचो समितीन निर्णय घेतलो. सर्वोच्च न्यायालयाच्या मार्गदर्शक तत्वांची वेळार आनी प्रभावीपणान अंमलबजावणी करपा खातीर जिल्ह्यांतल्या सगळया शिक्षणीक संस्थांक समिती कडेन पुराय सहकार दिवपाचे निर्देश जिल्होधिकाऱ्यांनी दिल्यात.

90 दामू नायक वाडदिसा

भाजपाचे प्रदेशाध्यक्ष दामू नायक हांणी आपल्या वाडदिसा निमतान हरवळेच्या श्री देव रुद्रेश्वराचो अभिषेक करून आपल्या दिसाची सुरवात केली. येवपी विधानसभा वेंचणुकेंत भाजपाक 27 सात 27 हो नारो खरो जावची अशी प्रार्थना केली अशें दामू नायक हांणी सांगलें. तशेंच गोंयकारांच्या सुख आनी समृध्दी खातीरुय प्रार्थना केल्याचे तांणी सांगलें.ह्या वेळार मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, तांची घरकान्न सुलक्षणा सावंत, राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे, आदले मंत्री दयानंद मांद्रेकार, जयेश साळगांवकार, तशेंच भाजपाचे

कार्यकर्ते व्हडा आकड्यान हाजीर आशील्ले.साखळे उपरांत पणजे भाजप मुख्यालयात दामोदर नायक हांच्या वाढदीसाची कार्यावळ जाली,ह्यावेळार मंत्री रोहन खंवटे,विश्वजीत राणे,बाबुश मोन्सेरात तशेंच भाजप कार्यकर्त्यांनी तांका वाढदीसाची परबी भेटयली.

.